# PAPER-III
# KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ______________________
   (Name) ______________________
2. (Signature) ______________________
   (Name) ______________________

OMR Sheet No. : .............................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |
(In figures as per admission card)

Roll No.______________________________
(In words)

**D 8 5 1 2**

Time : 2 $^1/_2$ hours] [Maximum Marks : **150**

Number of Pages in this Booklet : **12**

Number of Questions in this Booklet : **75**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of seventy five multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** Ⓐ Ⓑ ● Ⓓ
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and Original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are, however, allowed to carry duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचहत्तर बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण :** Ⓐ Ⓑ ● Ⓓ
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पुस्तिका के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई अंक काटे नहीं जाएँगे ।**

# कोंकणी

## प्रश्नपत्र – III

**सुचोवणी :** (i) ह्या प्रस्नपत्रांत **पंच्याहत्तर (75)** भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.
(ii) **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो बरोवच्यो.
(iii) दर एका प्रस्नांचे सारके जापेक **दोन (2)** गूण दवरल्यात.
(iv) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे सकयल दिलल्या (A), (B), (C), (D) ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षराचेर कुरु करुन दिंवची.

**1.** 'अरुण सिंगबाळाच्या कथालेखनांतल्यान वृत्तीची प्रादेशिकताय दिसता.' अशें विधान तांच्या कथेविशी कोणे केलां ?

(A) लक्ष्मणराव सरदेसाय
(B) सु.म. तडकोडकार
(C) हरिश्चंद्र नागवेंकार
(D) किरण बुडकुले

**2.** श्रीधर काशिनाथ नायक हांचे टोपणनांव खंयचें ?

(A) गोम पै
(B) इन्द्रकर
(C) ए.फ्. मॅजिकवाला
(D) हापशी

**3.** सूची वाङ्मयाचो जनक आनी ताच्या सूचीचें नांव, उजवाडावणे वर्स खंयचें ?

(A) कॉनराड जॅनसर, १५४५
(B) रॉबर्ट वॉट्स, १५४०
(C) जॉकीस चार्लस्, १५४२
(D) पॉवल ऑटलेट १५४७

**4.** 'देमान्द' या नाटकांत कितलीं पात्रां आसात ?

(A) ११
(B) १२
(C) १३
(D) १४

**5.** 'तेर्झारीमा' ही काव्यरीत खंयच्या काव्यांत आपणायल्या ?

(A) 'पॅरॅडायज लॉस्ट'
(B) 'एनेयद'
(C) 'एव आनी मेरी'
(D) 'उश् लुझीयदश'

**6.** नाका-तोंडांतल्यान काडूंक येता तो सगळ्यांतलो ल्हान ध्वनी, हाकाच ________ म्हणतात.

(A) व्यंजन म्हणतात
(B) स्वनीम म्हणतात
(C) स्वन म्हणतात
(D) स्वर म्हणतात

**7.** 'कोंयसावाली गोरवां' ही कथा कोणाची ?

(A) पुंडलीक नारायण नायक
(B) दामोदर मावजो
(C) चंद्रकान्त केणी
(D) वसंत सावंत

**8.** योग्य तो पर्याय वेंचून विधान पुराय करात.
"एके भाशेक एका परस चड लिपी आशिल्यो दिसून येतात. कारण ________ "

(A) दुसऱ्या देशांतल्या लोकांनी घुरी घाल्यान.
(B) कांय भासो दुसऱ्या लिपयेंत बरोवंक येतात.
(C) एकच भाशीक लोक इतिहासातले घडणुकेक लागून विंगड-विंगड वाठारांत गेल्ल्यान.
(D) कांय भासो खूब वर्सां आदीं बरोवंक लागलेल्यान.

9. ‘हिंद देवते’ ही कविता कोणाची ?
(A) बाकीबाब बोरकार
(B) पांडुरंग भांगी
(C) शंकर रामाणी
(D) मनोहरराय सरदेसाय

10. कन्नड लिपीयेतल्या कोंकणी कादंबरीचें मुळावण घालपी कादंबरी खंयची ?
(A) ‘रोजमेरी’
(B) ‘बासिलाचें सपन’
(C) ‘आंजेल’
(D) ‘न्हवरो जाय’

11. “कोंकणीच्या आंगणातली सोबीत रांगोळी” अशें कोणे आनी कोणाच्या कथेसंबंदान म्हळा ?
(A) पुंडलीक नायक हांणीं जयमाला दणायत हांच्या कथेसंबंदान
(B) हरिश्चंद्र नागवेकार हांणी शीला कोलंबकार हांच्या कथेसंबंदान
(C) लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी मीना काकोडकार हांच्या कथेसंबंदान
(D) मनोहरराय सरदेसाय हांणी शीला नायक हांच्या कथेसंबंदान

12. “लघुकथा म्हळ्यार एक गद्य प्रकार जो वाचपाक अर्द वर वा एक वर लागता.” अशी कथेची व्याख्या कोणे केल्या ?
(A) सॉमरसेट मॉम
(B) एडगर ॲलन पो
(C) प्रोस्पेर मेरिमे
(D) बॉल्झाक

13. ‘सोळाव्या शेकड्यांतलें कोंकणी महाभारत आदि पर्व’ ह्या पुस्तकाचें संपादन कोणे केला ?
(A) प्रा.लु.आ. रोद्रीगिश
(B) दो. मॅथ्यू आल्मेदा
(C) उषा हळदणकार
(D) प्रताप नायक

14. र.वि. पंडित हांची पयली कोंकणी कविता खंयची ?
(A) हांव गावडो
(B) म्हजें इल्लेंशें काळीज
(C) अमर रुख
(D) कोणाक कांय नाका

15. ‘कोंकणीचो उगम महाराष्ट्री प्राकृतातल्यान जालो’ हें मत कोणालें ?
(A) मनोहरराय सरदेसाय
(B) शणै गोंयबाब
(C) नागेश सौंदे
(D) सु.बा. कुलकर्णी

16. सोहिरोबानाथ आंबिये हांचे मुळावें नांव किदें ?
(A) अच्युत अनंत संझगिरी
(B) वेणीमाधव शेणवी बोरकर
(C) अनंत चंद्रोबा डुकले
(D) गोविंद नारायण माडगांवकर

17. भारताक आयज ‘एक भाशीक वाठार’ लेखतात कारण ________
(A) भारतांतल्या भासांचेर मुंडारी भाशेचो प्रभाव दिश्टी पडटा.
(B) भारतातल्या विंगड-विंगड वाठारात एकूच भास उलयतात.
(C) भारतातल्यो भासो एकाच कुलांतल्यान जल्माक आयल्यांत.
(D) वेगळ्या कुळांतल्या भारतीय भासांभितर थळावें सारकेपण आसा.

18. ‘वाऱ्यावयलें सपन’ ही कथा खंयच्या कथासंग्रहातली ?
(A) दोंगर चंवल्ला
(B) ओली सांज
(C) रूमडफूल
(D) पलतडचें तारूं

19. कविताझेल्यांच्या उजवाडणी वर्साप्रमाण तांचो क्रम लायात.

(A) पिसोळीं, जायात जागे, जायो जुयो, आयज रे धोलार पडली बडी

(B) जायो जुयो, जायात जागे, आयज रे धोलार पडली बडी, पिसोळीं

(C) आयज धोलार पडली बडी, जायात जागे, जायो जुयो, पिसोळीं

(D) आयज रे धोलार पडली बडी, जायो जुयो, पिसोळीं, जायात जागे

20. 'कोंकणी सपस्पतींत पडिल्लो बार्रोक शैलीचो प्रभाव त्या भांगरा युगा चें सर्वोत्तम साहित्यकृतींत दिपकावन झगमगता.' अशें डॉ. ओलिव्हिन्यु गोमिश हाणी खंयच्या साहित्यकृतीसंबंदान म्हळां ?

(A) सगळ्या वरुसाचे वांजेल

(B) देवाची एकांग्र बोलणी

(C) गोड्डे रामायण

(D) वनवळ्यांचो मळो

21. सकयल दिल्ले प्रातिनिधिक कविताझेले आनी तांचे संपादक हांच्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. अप्रूप | ५. माधव बोरकार |
| २. रत्नांहार | ६. चंद्रकान्त केणी |
| ३. तीन दसकां | ७. मनोहरराय सरदेसाय |
| ४. पांच दसकां कोंकणी कवितेची | ८. हेमा नायक |
| | ९. र.वि. पंडित |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ९ | ८ | ५ | ७ |
| (B) | ८ | ९ | ५ | ६ |
| (C) | ८ | ५ | ७ | ९ |
| (D) | ८ | ९ | ६ | ५ |

22. 'कार्लुस माग्न' हो तियात्र खंयच्या कंपनीवरवीं माचयेर आयलो ?

(A) डोगलास कॉमिक ऑपेरा

(B) दॉ कार्लुश ड्रामाटिक युनिटी

(C) रिबेअन आनी डिक्रूज ऑपेरा कंपनी

(D) धि गोअ पॉर्च्युगीज ड्रॅमाटिक कंपनी

23. 'आर्त-द-लिंग्व कानारी' ह्या कोंकणी भाशेच्या व्याकरणाची पयली उजवाडणी केन्ना जाली ?

(A) १६२६

(B) १५५६

(C) १६२२

(D) १६४०

24. सकयल दिल्ला कवितेंतल्या कडव्यांतली निमणी वळ खंयची ?

क्रांत आनी शांतताय

काम आनी सोबीतकाय

धर्तरेची कूस जागोंवक

(A) गोंयचे कुशींत न्हीद जाय

(B) कुदळीचो मंत्र जाय

(C) मेकळो शितळ वाव जाय

(D) कवळे वेंगेंत मोग जाय

25. "सर म्हजी सर्जकता प्राचीच्या नांवार चलयतात." अशें कोणे कोंणाक म्हळे ?

(A) प्रसादान सुप्रियाक

(B) ज्ञानेशान सुप्रियाक

(C) सुप्रियान प्रसादाक

(D) सुप्रियान ज्ञानेशाक

26. 'आयब' लेख खंयच्या ललीत लेखसंग्रहात आसा ?

(A) उजवाडाचे सूर

(B) मनमोतयां

(C) देवकापसाच्यो वाती

(D) जाय काय जूय

27. 'सुनापरान्त' हें कोंकणी दिसाळें खंयच्या वर्सासावन सुरू जाले ?

(A) १९८९

(B) १९८७

(C) १९८५

(D) १९८३

28. दामोदर मावजो हांणी बरयल्या भोंवडेवर्णनाचें नांव हांतलें खयचें ?

(A) कालीघाट ते करुणाघाट

(B) जपान असो दिसलो

(C) उंटाच्या देशांत

(D) विवेकानंदपुरमात

29. योग्य तो पर्याय वेंचून वाक्य पुराय करात.

"इ.स. १९१६ च्या प्रांतीक सभेंत कोंकणी भाशेंतल्यान मुळाव्या पावंड्याचेर शिकोवपाची थारावणी करूनय तशें जावक पावले ना. कारण ________"

(A) गोयाभायल्या व्हडविकेक पाविल्या गोंयकारानी तशें जांवक दिले ना.

(B) कोंकणीचे विरोधक ती थारावणी खरेंपणात हाडपाक कशेच दिनासले.

(C) इग्लिशीचो मोग आशिल्या गोंयकारानी तशें जावक दिलें ना.

(D) पुर्तुगेज भाशेच्या प्रभावाक लागून तशें जावक पावलेना.

30. 'सॅन्स आनी रॅफरन्स' हांतूत मुळावो भेद आसा हो विचार खंयच्या जर्मन तत्वगिन्यानी मनशाचो आसा ?

(A) शॉपेन हॉवर

(B) मॅक्समुल्लर

(C) कॉनराड जेन्सर

(D) फ्रेगे

31. स्वनांचे खयचें जातींत 'आय्, आव्, ओय्, ओव्' हें नाद येतात ?

(A) व्यंजनान्त

(B) जोड स्वर

(C) एकोडे

(D) अर्द

32. पणजे शारांत राम मनोहर लोहियांच्या यादस्तीक ओपिल्लें स्मारक खंयचें ?

(A) १८ जून रोड

(B) ३१ जानेर रोड

(C) आझाद भवन

(D) आझाद मैदान

33. सकयल दिल्ल्या वाक्यांतले खंयचें वाक्य बरोबर आसा ?

(A) 'कासय' ही कोंकणी कथा दामोदर मावजो हाणी बरयल्या.

(B) 'वालोर' एक बरो कथाझेलो आसा.

(C) 'पांच दसका कोंकणी कवितेची' हो कविता झेलो माधव बोरकार हाणी संपादित केला.

(D) 'जाय काय जूय' हें पुस्तक फुलाझाडाची म्हायती दिता.

34. हांतूतल्या खंयच्या जोडयेक साहित्य अकादमीचो अणकाराचो पुरस्कार फावो जाला ?

(A) माधवी सरदेसाय – कस्तुरी देसाय

(B) किरण बुडकुले – माधवी सरदेसाय

(C) हेमा नायक – जयंती नायक

(D) कस्तुरी देसाय – किरण बुडकुले

35. ल्युर्दिन रॉद्रिगिश, शाम वेरेंकार, जयंती नायक, कमलावती राव देशपांडे खंयच्या मळाचेर संशोधनात्मक वावर करतात ?

(A) राजभास

(B) लोकवेद

(C) शब्दकोश

(D) साहित्यसंपादन

36. 'त्रासदी मनशांचे' न्हय तर, 'कार्यरत मनशांचे' आनी जीवनाचे अनुकरण करता अशें कोण म्हण्टा ?

(A) प्लेटो

(B) मैथ्यू आर्नल्ड

(C) ॲरीस्टोटल

(D) टी.एस. इलीयट

37. सकयल दिल्ल्यो वळी खंयच्या काव्यांतल्यो आसात ?

" ... म्हा व्हड झुजाऱ्यांनी पांडवांच्या काळार
केल्ल्यो किर्तीभरीत करण्यो रणा-मळार
या कांय राय-कुळ्येच्यांक आसच्यो खंती, आकांत
सिता-रामान भोगल्या बरी दंडक वनांत ...."

(A) एव आनी मेरी

(B) गोड्डे रामायण

(C) पाशावांचें गीत

(D) आब्रांवाचें यज्ञदान

38. जे.बी. मोरायश हांच्या 'विधिचो खेळ' ही साहित्य रचना खंयच्या प्रकारांतली ?

(A) समाजीक नाटक

(B) इतिहासिक नाटक

(C) संगीत नाटक

(D) राजकी नाटक

39. 'भितरलें तूफान' ह्या साहित्य अकादमीन पुरस्कृत केल्ल्या साहित्यकृतीक आनीक खंयचो पुरस्कार मेळिल्लो आसा ?

(A) टी.एम.ए. पै फाउंडेशन पुरस्कार

(B) केरळ कोंकणी अकादमी

(C) महाराष्ट्र गौरव पुरस्कार

(D) विश्व कोंकणी प्रतिश्टान पुरस्कार

40. नागेश सौंदे हांणी कोंकणी भाशेचो उगम खंयच्या भाशेतल्यान जाला अशें मानलां ?

(A) शौरसेनी अपभ्रंश

(B) वैदिक संस्कृत

(C) महाराष्ट्र प्राकृत

(D) संस्कृत प्राकृत

41. 'साहित्याचें एक व्हड पर्व जावन गेल्याबगर भाशेक थिरताय येना' हें वाक्य कोणालें ?

(A) रवींद्र केळेकार

(B) मॅक्समुल्लर

(C) लक्ष्मणराव सरदेसाय

(D) लॉन्जाइनस

42. 'निमज्जन' हो केरळी कोंकणीचो कथा झेलो खंयच्या वर्सा उजवाडा आयलो ?

(A) १९७८

(B) १९८६

(C) १९९३

(D) १९९९

43. १६ जानेवारी १९६७ हो दीस कसलो दीस म्हणून मनयतात ?

(A) क्रांतीदीस

(B) कोंकणी दीस

(C) कोंकणी अस्मिताय दीस

(D) राजभास दीस

**44.** कवी आनी कवितेच्या जोडयेतलो फावोतो पर्याय वेंचात.

१. सावळी
२. जागी जाल्या गोंयची सासाय
३. रेंवेंतली पावलां
४. जेजू म्हजो आयलो परत

५. जेस फॅर्नांडीस
६. बाकीबाब बोरकार
७. र.वि. पंडित
८. मनोहर राय सरदेसाय
९. पांडुरंग भांगी

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ६ | ९ | ८ | ७ |
| (B) | ८ | ७ | ९ | ६ |
| (C) | ९ | ६ | ७ | ८ |
| (D) | ४ | ६ | ८ | ९ |

**45.** कलाकृती आनी बरोवपी हांच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

१. थांग-अथांग
२. अथांग
३. संस्कार
४. पाजण

५. पुंडलीक नायक
६. नागेश करमली
७. जयंती नायक
८. प्रकाश थळी
९. एन. शिवदास

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ५ | ६ | ७ | ९ |
| (B) | ७ | ६ | ९ | ५ |
| (C) | ६ | ८ | ९ | ७ |
| (D) | ६ | ७ | ८ | ५ |

**46.** 'सामान्य वाचप्यांक' ह्या माथाळ्याची प्रस्तावना खंयच्या पुस्तकाक आनी कोणे बरयल्या ?

(A) आस्वादन – रवींद्र केळेकार
(B) कोंकणी निबंद संग्रह – श्याम वेरेंकार
(C) कोंकणी व्याकरणी बांदावळ ची – रामचंद्र शंकर नायक
(D) मोगाचें लग्न – रामचंद्र शंकर नायक

**47.** 'कोंकणी शब्दसागर' ह्या कोशाचे सह संकलक हांतले कोण ?

(A) तानाजी हळर्णकार
(B) श्रीपाद रघुनाथ देसाय
(C) एस.एस. नाडकर्णी
(D) रॉकी मिरांदा

**48.** हांतली खंयची जोडी बरोबर आसा ?

(A) सगळ्या वरूसांचे वांजेल –वर्सावळीची कार्यावळ सांगपी ग्रंथ
(B) फ्लोस सांतारूक्म –संताच्या जीणेचेर आदारित काव्य.
(C) रिगलो जेझू मळ्यांत – विळाप गीत
(D) एव आनी मरी –क्रिस्तान सोशिंल्ल्या कश्टाचेर रचिल्लें काव्य.

**49.** लक्ष्यार्थ म्हळ्यार ________

(A) उतरांतलो व्यंग्यार्थी अर्थ
(B) अभिधेतल्यान वाच्यार्था चो अर्थ लागप
(C) उतरांचो अर्थ कळीत जातना वाच्यार्थाच्या फाटल्यान लिपिल्लो आसता तो अर्थ
(D) वाच्यार्थाचो अर्थ

**50.** 'वक्रोक्तिजीवितां' तल्या प्रकरणांक कुंतकान कसलें नांव दिलां ?

(A) विमर्श
(B) अध्याय
(C) उन्मेष
(D) वांटो

**51.** शणै गोंयबाबांच्या मत्तान 'सुपुल्ल्या भुरग्यांक कोंकणी भाशेन शिकयल्यार ______'

(A) भुरग्यांचो आवय भाशेविशींचो मोग वाडटा.

(B) मुरगी मुखार कोंकणी भाशेंतल्यान बरी साहित्य निर्मणी करूं शकतात.

(C) सटकरून समज पडून, शिकपांत तीं बेगीन फुडें सरतात.

(D) भुरगीं सटकरून भास शिकतात.

**52.** काव्याची सोबीतकाय वाडोवपी उपमा, उत्प्रेक्षा, रूपक ह्यों संज्ञा महळ्यार ________

(A) शब्दालंकार

(B) अर्थालंकार

(C) काव्यगुण

(D) उभयालंकार

**53.** कविता झेलो आनी ताचें उजवाडाचें वर्स हांच्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. आयज रे धोलार पडली बडी | ५. १९६१ |
| २. गोंया तुज्या मोगाखातीर | ६. १९६२ |
| ३. जायो जुयो | ७. १९६४ |
| ४. पिसोळीं | ८. १९७० |
| | ९. १९७८ |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ७ | ९ | ६ | ५ |
| (B) | ६ | ५ | ७ | ८ |
| (C) | ५ | ७ | ८ | ९ |
| (D) | ६ | ८ | ७ | ९ |

**54.** हांतूतलो खंयचो बरोवपी समिक्षक न्हय.

(A) सु.म. तडकोडकार

(B) वामन नायक

(C) रमेश वेंळुस्कार

(D) हरिश्चंद्र नागवेकार

**55.** सकयल दिल्ल्या पुस्तकातले खंयचें पुस्तक अणकारीत आसा ?

(A) मान्नी पुनव

(B) राजा चंद्रहास

(C) मोनी व्यथा

(D) सोडवाट

**56.** कादंबरी आनी तांचे बरोवपी हांच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | |
|---|---|
| १. हुंवार | ५. महाबळेश्वर सैल |
| २. युगसांवर | ६. अवधूत कुडतरकार |
| ३. वादळ आनी वारें | ७. तुकाराम शेट |
| ४. शक्तिपात | ८. दत्ता नायक |
| | ९. फा. आन्तोनियु परैरा |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ८ | ५ | ९ | ६ |
| (B) | ९ | ७ | ५ | ६ |
| (C) | ८ | ५ | ६ | ७ |
| (D) | ७ | ५ | ६ | ९ |

**57.** 'दोन किहोत' हें पुस्तक मुळावें खंयच्या भाशेतलें आसा ?

(A) संस्कृत

(B) कन्नड

(C) मल्ल्याळी

(D) स्पॅनिश

**58.** हांतुतले खंयचें नादा जोडयेतलें वेगळेपण नाद-पट्टयांच्या अवस्थांचेर आदारिल्ले आसा ?

(A) क् आनी ग्

(B) ख् आनी घ्

(C) च् आनी ज्

(D) ह् आनी ळ्

**59.** सकयल दिल्लें विधान पूर्ण करूंक फावो तो पर्याय वेंचात.

"शणै गोंयबाबांल्या मत्तान आमगेली भास एकरूपी जावन ती घसघशीत वाडूंक जाय.... आनी संवसारात आमगेले भाशेक आनी आमकां मान मेळूंक जाय जाल्यार ________"

(A) कोंकणीत स्वतंत्र सरस्पत घडूंक जाय.

(B) तिची एकूच लिपी थारावंक जाय.

(C) उलोवपांत आनी बरपांत ती सगळ्यांक सारकीच आसूंक जाय.

(D) तांतुतल्या साहित्याची समीक्षा साक्षेपान जावंक जाय.

**60.** सकयल दिल्ल्या अणकारीत रचनां चो मूळ बरोवपी कोण ते वळखून बरोबर पर्याय वेंचात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | लांवां-भुतां | ५. | श्याम वेरेकार |
| २. | गीता-प्रवचनां | ६. | रवींद्रनाथ ठाकुर |
| ३. | वणटी | ७. | विनोबा भावे |
| ४. | दोळ्यांतले किशीर | ८. | वायकोम महम्मद बशीर |
| | | ९. | हेनरिक इबसन |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ५ | ६ | ७ | ८ |
| (B) | ९ | ७ | ८ | ६ |
| (C) | ६ | ८ | ५ | ९ |
| (D) | ५ | ९ | ८ | ६ |

**61.** विसर्ग संधी वळखात

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | सदानंद | ५. | तमोगुण |
| २. | गुरुपदेश | ६. | सच्चरित्र |
| ३. | मनस्ताप | ७. | अत्यानंद |
| ४. | संयोग | ८. | चंद्रोदय |
| | | ९. | वाङ्मय |

(A) १ आनी ५

(B) २ आनी ६

(C) ३ आनी ८

(D) ३ आनी ५

**62.** कोंकणी राजभास, गोंय घटकराज्य आनी घटनेचे आठवे वळेरेंत कोंकणीचो आसपाव ह्या मागण्यांखातीर १९८५ ह्या वर्सा ________ ह्या संस्थेची स्थापना जाली.

(A) राजभास मंडळ

(B) कोंकणी प्रजेचो आवाज

(C) कोंकणी अकादेमी

(D) कोंकणी भाशामंडळ

**63.** मनोहरबाबली गीतां, बरपाक्षरी संवसारांत भितर सरूंक नाशिल्या भुरग्यांचेर शेक गाजयतात. कारण ______

(A) तांतली म्होवाळ भास

(B) तांतले संगीत

(C) तांतली भुरग्यांली भास

(D) तांतली नादमय भास

**64.** 'देखणी दुराय' हें शीर्शक कसले तरेच्या निर्मणेचें ?

(A) कविताझेलो

(B) कोंकणी कविता

(C) कोंकणी सिनेमा

(D) बालगीत

**65.** बरोबर पर्याय वेंचात.

बाब ज्युआंव आगुशतीन फेर्नादिस हांका 'कॉमीक फेर्नादिस' म्हूण पाचारलें कित्याक तर _______

(A) ते लोकांचें दूख, गितांतल्यान दाखयताले

(B) तांणी मोलियराचीं कांय फ्रांसेज नाटकुलीं कोंकणीत अणकारित केली.

(C) कांय तियात्रांनी ते फकाणेराचें सवंग करतालो.

(D) फकाणेरांची तालीम सारकी जाले बगर ते तियात्र माचयेर दाखय नासले.

**66.** कथा आनी तांतल्या पात्रांच्यो जोडयो लायात.

१. देवतंवशीं ५. कायतान

२. खोल खोल तळीं ६. रामचंद्र

३. व्हंकल ७. देवयानी

४. आराट्ट ८. श्रीनिवास

९. रंगा

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ५ | ६ | ७ | ८ |
| (B) | ७ | ९ | ५ | ६ |
| (C) | ७ | ८ | ५ | ९ |
| (D) | ५ | ८ | ६ | ७ |

**67.** कोंकणीत साहित्याची जाय तशी मोलावणी जायना हाचें कारण _______

(A) साहित्य समीक्षा परखडपणान करप म्हळ्यार बेश्टेंच वायटपण घेवप असो समीक्षकांचो समज जालां.

(B) साहित्य समीक्षा परखडपणान करीनात.

(C) कोंकणीत मोलावणी करपी बरोवपी नात.

(D) कोंकणीत साहित्याची मोलावणी करप समा मानीनात.

**68.** 'लक्ष्मणरावांच्यो कथा वाचतकच बशिल्ले कडेन पुराय गोंयचें दर्शन घडटा' अशें कोण म्हण्टा ?

(A) वि.स. सुखटणकार

(B) रा.भि. जोशी

(C) श्री ज. जोशी

(D) प्रियदर्शिनी तडकोडकार

**69.** उतराक उपरान्त कूस लागता ताका _______

(A) प्रत्यय म्हणटात

(B) उपसर्ग म्हणटात

(C) धातूरूप म्हणटात

(D) वर्ण म्हणटात.

**70.** अर्थविचारांतली सगळ्यांत आर्विल्ली पद्धत खंयची ?

(A) अर्थ विस्कटावणी

(B) घटक विस्कटावणी

(C) शब्द विस्कटावणी

(D) वाक्य विस्कटावणी

हो उतारो वाचून सकयल दिल्या प्रस्नांच्यो जापो बरोंवच्यो.

१९१०च्या सुमाराक आधुनिकतायेचें वारें व्हावूंक लागलें. पुराय मनीस कुळयेच्या सभावांतच वेगळेपण आयलें आनी जिविताच्या सांगातान साहित्याकडेन पळोवपाची दृश्टी बदल्ली. विज्ञानीक उदरगतीक लागून भोंवतणच्या वास्तवांत कांय मुळावी परिवर्तनां जातात आनी तांकां अनुसरून मानवी संस्कृतायेच्या जायत्या पांवड्यांचेर आनी घटकांमदीं परिवर्तनां जावप सभावीकच. धर्म, कला सारकेल्या संस्कृतायेच्या पोरण्या घटकांत ही परिवर्तनां घडटना परंपरीक, प्रस्थापीत गजालिंचे सुवातेर नव्याची स्थापना करतना कलावंत कांय प्रमाणांत स्वताली मत्तां, विचार जुळोवन घेता. अशे तरेन जुळोवन घेवपाची आनी परंपरीकाक नवें रूप दिवपाची मानसिकताय म्हळ्यार आधुनिकतावाद. वाङ्मयकृतिंचो कलावादी भुमिकेतल्यान विचार जावंचो हो आधुनिकतावादाचो दृश्टीकोण.

वाङ्मयाच्या मळार आधुनिकतायेची ही नवी संकल्पना रोमॅण्टीक चळवळींतल्यान येवंक ना. तर ती देव आनी धर्म हांका पर्याय म्हूण निर्माण जाली. तो निखटे लेखनशैलिचो आविश्कार सोदपाचो येत्न न्हय. अन्तरंग आनी बहिरंग धवळून काडपी नवी प्रभावी विचारप्रणाली आधुनिकतावादी संप्रदायाक साकार करूंक पावली. ह्या संप्रदायाचे विशेश रोमॅण्टिसिझमापरसय वेगळे आनी स्वतंत्र आसात. स्वातंत्र्य, समता, बंधुता, परंपरिकांच्या विरोधात बण्ड, सैमाचो मोग, गूढ भूतकाळाविशीं आकर्शण, अप्राप्याविशिंची ओढ अशें रोमॅण्टिसिझमचें विशेश आशिल्ले अशें म्हणूं येता. तर धर्माचें म्हत्त्व उणें करप, बुद्धीप्रामाण्यवाद, विज्ञाननिश्ठा, स्वातंत्र्य, समता, बंधुभाव, मनीसकुळयेचें हीत सांबाळप, व्यक्तिवाद, अस्तुरीची सन्मानजनक जपणूक, मनशांच्या परस्पर नात्यांतलें परिवर्तन, इतिहासाचें भान बाळगप ह्यो गजाली आधुनिकतावादाच्यो विशेशतायो आसात अशें सांगूं येता.

रोमॅण्टिसिझमांत एके तरेचो आशावाद आशिल्लो पूण आधुनिकतावादांत आशावादाचो अभाव आसा तशेंच खंयच्याय भायल्या आकर्शणांतल्यान इतिहासाविशिंचो मोग येवंक नासल्यारय तो नवे जाणविकायेचो वांटो म्हूण येता. आधुनिकतावादाचो संबंद कलेंतले प्रयोगशीलतेकडेन आसा. देखून बरोवप्याच्या व्यक्तिमत्वापरस कलाकृतिची एकात्मताय, सलगताय आनी अर्थपूर्णताय, आकार ह्यो गजाली म्हत्त्वाच्यो मानूंक येतात.

**71.** हांतुतलें खंयचें विधान बरोबर न्हय ?

(A) जिविताच्या सांगातान साहित्याकडेन पळोवपाची दृश्टी बदलली.

(B) विज्ञानीक उदरगतीन मुळावी परिवर्तनां जालीं.

(C) सभावीक रीतीन संस्कृतायेच्या पावंड्यार परिवर्तनां जालीं.

(D) पारंपरिकाक पुराय नवें रूप दिवप म्हळयार आधुनिकतावाद

**72.** योग्य पर्याय वेचून विधान पुराय करात.

"देव आनी धर्म हांका पर्याय म्हूण _______"

(A) वाङ्मयीन आधुनिकतायेची संकल्पना निर्माण जाली.

(B) आधुनिकतायेची संकल्पना रोमॅण्टिक चळवळीतल्यान निर्माण जाली.

(C) आधुनिकतायेची नवी संकल्पना निर्माण जाली.

(D) वाङ्मयीन आधुनिकतायेची नवी संकल्पना निर्माण जाली.

**73.** सकयल दिल्ले खंयचे विधान बरोबर आसा ?

(A) आधुनिकतावादाचो संबंद कलावादी दृश्टीकोणाकडेन आसा.

(B) आधुनिकतावादाचो संबंद प्रयोगाकडेन आसा.

(C) आधुनिकतावादाचो संबंद कलेंतले प्रयोग शीलतेकडेन आसा.

(D) आधुनिकतावादाचो संबंद प्रयोगशीलतेकडेन आसा.

**74.** संस्कृतायेच्या खंयच्या पावंड्यार परिवर्तन सभावीकतायेन जाता ?

(A) स्वातंत्र्य, समता

(B) धर्म, कला

(C) विज्ञाननिश्ठा, बंधुभाव

(D) व्यक्तिवाद, नातेसंबंद

**75.** उताऱ्याक फावो तो माथाळो दियात.

(A) आधुनिकता आनी साहित्य

(B) आधुनिकतावादाच्यो विशेशतायो

(C) आधुनिकतावादी दृश्टीकोण

(D) आधुनिकतावाद आनी कला

**Space For Rough Work**